# कामाच्या थळार बायलांचो लैंगीक छळ प्रतिबंध कायद्याखाला दक्षीण गोंयांत थळाव्या कागाळ समितीची नेमणूक

ता. 2 जानेवारी 2025

दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान "कामाच्या थळार बायलांचो लैंगीक छळ (प्रतिबंध आनी निवारण) कायद्या खाला श्रीमती नेहा ए. नाईक पानवेलकर हांच्या अध्यक्षतेखाला दक्षीण गोंयाखातीर थळाव्या कागाळ समितीची नेमणूक केल्या.

श्रीमती आवदा व्हिएगस, निमिशा फालेरो, अड. पॅस्टी डिसिल्वा, आनंद गावडे, सिस्टर दिप्ती कुरूविल्ला, समाज कल्याण खात्याचे जिल्हा कल्याणकारी अधिकारी आनी बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याचे जिल्हा कार्यक्रम अधिकारी हे समितीचे वांगडी आसात. लैंगीक छळाच्यो कागाळीं स्विकारप आनी चवकशी करपाचे अधिकार समितीक आसतले.

तशेंच दक्षीण गोंय जिल्ह्यातले गट विकास अधिकारी आनी नगरपालिका मुख्याधिकारी गट आनी तालुका पांवड्याचेर नोडल ऑफिसर म्हूण अशों कागाळीं स्विकारतले आनी उपरांत थळाव्या कागाळ समिती कडेन धाडटले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/05

--

-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.